PARLIAMENT SESSION-60

आज अठराव्या लोकसभेचे पयले अधिवेशन फाल्यां सुरु जातलें. अधिवेशनांत नव्यान वेचून आयिल्ल्या खासदारांक सोपूत दितले. हंगामी सभापती म्हणून नेमिल्ले भाजपाचे वरिश्ठ खासदार भरतरुहारी महताब नव्यान वेचून आयिल्ल्या लोकसभा खासदारांक सोपूत दितले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाचे 27 जूनाक लोकसभा आनी राज्यसभेच्या संयुक्त बसकेत अभिभाषण जातले. राज्यसभेचे अधिवेशन ह्या म्हयन्याच्या 27 तारखेक सुरू जातले. संसदेचे अधिवेशन फुडल्या म्हयन्याचे 3 तारखेक सोपतले.

Amit Shah-190

गृहमंत्री अमित शाह हाणी भारतिय हवामान खात्याक आनी केंद्रीय उदका आयोगाक हुंवाराचे बरे तरेन वेवस्थापन करपा खातीर न्हयांच्या उदका पातळेची अदमास पद्दत सुदारपाचे यत्न करचे अशें निर्देश दिल्या. हुंवार वेवस्थापनाचे तयारेचो नियाळ घेवपा खातीर नवी दिल्लीत शाह हांच्या अध्यक्षते खाला उच्चस्तरीय बसका जाली. देशांत हुंवाराचे धोके उणे करपा खातीर व्यापक आनी दूरगामी धोरणाची अंमलबजावणी करपाखातीर दीर्घकालीन उपाययोजनांचो नियाळ घेतलो. वीज पडपा संबंदी आयएमडीचे अलर्टस एसएमएस, टीव्ही, एफएम रेडिओ आनी हेर माध्यमांतल्यान लोकां मेरेन पावोवचे अशें निर्देश तांणी दिले. वेगवेगळ्या खात्यांनी विकसित केल्ल्या हवामान, पावस आनी हुंवाराची शिटकावणी संबंदीत ॲप्स एकत्रित करपाच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला देशांतलें आपत्ती वेवस्थापन शून्य जिवीत हानी हे उद्धिष्ट दवरून मुखार वता अशें शाह हाणी सांगलें. हुंवाराच्या अदमासाक वापरिल्ल्या सगळ्या उपकरणांच्या कार्यपद्दतीची चवकशी पुराय

करपाचो निर्देश तांणी केंद्रीय उदका आयोगाक आनी हवामान खात्याक दिलो. तशेंच सगल्या मुखेल धरणांचे हुंवाराचे दार बऱ्या स्थितींत आशिल्ल्याचेखात्री करपाचे निर्देश तांणी दिले. केंद्रीय उदका आयोगाचीं हुंवार निरिक्षण केंद्रां देशाच्या गरजां प्रमाण आनी आंतरराष्ट्रीय मानकां प्रमाण आसूंक जाय अशें तांणी सांगलें केंद्रीय जल शक्ति मंत्री सीआर पाटिल, गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय, केंद्रीय गृह सचीव, वेगवेगळ्या मंत्रालयां आनी खात्यांचे सचीव आनी वरिश्ठ अधिकारी हे बसकेक हाजीर आशिल्ले.

Story 130

बाणावली जिल्हा पंचायत यत पोट वेचणूकेत आज वह ५२. १२ टक्के मतदान जालें. आज सकाळी ८ वरांचेर हे मतदान सुरु जाल्ले. साष्टी तालुक्यात हेर तीन पंचायतीच्यादरेकी एका प्रभागाखातीर पोट वेचणूक जाली. तातुंतल्या राशोल पंचायतीच्या प्रभाग पाच खातीर ७७.९७ टक्के, सुरावली पचायतीच्या प्रभाग २ खातीर ७०.५७ टक्के, असोळणा पंचायतीच्या प्रभाग एक खातीर ६०.८७टक्के तर केपे तालुक्यातल्या शेल्डे पंचायतीच्या प्रभाग २ खातीर ८५.०९ टक्के मतदान जाले. हे मतदान कसलेय आडखळी वीणा पार पडले अशी माहिती प्रशनाकडल्यान मेळली. काल आज सगळ्यांचे लक्ष बाणावली जिल्हा पंचायत पोट वेचणूकेचेर लगिल्ले. आदले वांगडी अपात्र ठरिल्ल्यान ही पोट वेचणूक जाल्ली. हे वेचणूकेत आप पक्षाचे वतीन जोसेफ पिमेता तर अपक्ष म्हणून ग्रेफन्स फर्नांडीस, रॉयला फर्नांडीस आणि फ्रैंक फर्नांडीस हे हेर तीन उमेदवार रिंगणात ऊभे आसात. फाल्या सकाळी मडगावा हांगा मतमेजणी जावपाची आसून सकाळी ११ वरां मेरेन निकाल स्पष्ट जातले असो अदमास उक्तायला.

Story 85

डा तालुक्यातल्या चर पंचायत पोट वेचणूके chim Chim खातिर मतदान आयज जाले आज सकाळी ८ वरांचेर हे मतदान सुरु जाल्ले.

फोंडा तालुक्यात चार पंचायतीच्यादरेकी एका प्रभागाखातीर ही पोट वेचणूक जाली. तातुंतल्या वळवई पंचायतीच्या प्रभाग दोन खातीर ९३.९८ टक्के केरी पंचायतीच्या प्रभाग ३ खातीर ७४.८६ टक्के. कंडई पंचायतीच्या प्रभाग सात खातीर ८९.५३टक्के तर बोरी पंचायतीच्या प्रभाग अकरा खातीर ८३.२८ टक्के मतदान जाले. हे मतदान कसलेय आडखळी वीणा पार पडले अशी माहिती प्रशनाकडल्यान मेळली.

फाल्या सकाळी फोंडा हांगा मतमेजणी जावपाची आसून सकाळी ११ वरां मेरेन निकाल स्पष्ट जातले असो अदमास उक्तायला.